**राजभवनार वनमहोत्सव मनयलो**

ता. 27 जुलय 2021

राजभवनार आयज रानां खात्याच्या जोड पालवान वनमहोत्सव मनयलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी तांची घरकांन्न एड. श्रीमती रिता श्रीधरन हांणी राजभवनच्या आवारांत आवाळो आनी आंब्याचे कलम रोयलें. जाल्यार राज्यपालाचे सचीव श्री. आर. मिहिरवर्धन हांणी पणसाचे झाड रोयलें.

ह्या वेळार राज्यपालाहस्तुकीं ''औषध वाटिका'' पुस्तीकेचेय प्रकाशन जालें.

राजभवना सरभोवतणच्या वाठारांतल्या सैमाची राखण करपा खातीर रानां खात्याच्या सहकार्यान राजभवनावतीन प्रयत्न करपात येता, अशें श्री. मिहिरवर्धन हांणी सांगलें. राजभवना सरभोवतणचो हिरवोचार वाठार सांबाळून दवरपाखातीर विंगड विंगड तरेची झाडां रानां खात्याच्या सहकार्यान लागवड करपात येता. फळझाडां, मसाल्याची झाडां आनी वखदीं झाडां रोवन राजभवन वाठार पर्यटकांचे आकर्शण करपाचे यत्न चालू आसात.

हांलीच जाल्ल्या तौकते वादळाक लागून राजभवन वाठारांत अनेक झाडां मोडून आनी उमटून पडल्यात. ह्या झाडांचे लुकसाण भरून काडपाखातीर चालू पावसाळी मोसमात राजभवन वाठारांत 500 फळझाडां आनी वखदीं रोपांची लागवड करपात येतली. तशेंच राजभवन वाठाराची सैमाची सोबीतकाय वाडोवन पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर आनीक कांय प्रकल्प राबोवपाची येवजण आसा, अशेंय तांणी सांगले.

राज्यपालांचे एडीसी श्री. विक्रम बोरकर, मुखेल रानपाल श्री. संतोष कुमार, उपरानपाल श्री. केशव कुमार, श्रीमती यशोदा ए. टी., डी. एम. कुडाळकर, रानां खातें आनी राजभवन कर्मचारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/620

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji